प्रादेशिक खबरो

30.03.2026 @ 7.25 am

PM – 110

अस्तंत आशियांतली परिस्थितीक लागून आव्हानात्मक काळ निर्माण जाला कारण हो वाठार भारताच्या ऊर्जेच्या गरजांखातीर एक मुखेल केंद्र आसा वावड्यांक बळी पडचे न्हय आनी सरकारान दिल्ले म्हायतीचेर विस्वास दवरचो असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आकाशवाणीवेल्या मन कि बात कार्यवळींत उलयताना मारलो.*प्रधानमंत्री मोदी हांणी भारताच्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजाचें जन भागीदारीतल्यान दस्तावेजीकरण करपाचो हेतू आशिल्ल्या ज्ञान भारतम् सर्वेक्षणाचेर भर दिलो. राष्ट्र निर्माणाची जापसालदारकी पुराय करपाक 'MY Bharat' हाची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें प्रधानमंत्र्यान सांगलें.* प्रधानमंत्री उदका संवर्धनाचेर उलयलें. देशाच्या जायत्या वाठारांनी गिमाची सुरवात जाल्ल्यान उदक वाचोवपाच्या संकल्पाचो पुनरुच्चार करपाची वेळ आयल्या अशें तांणी म्हळें. *

Mahesh sir – 50

नुसतेमारी व मत्स्यपालन जागतिक दिसा निमतान गोवा ॲनिमल लिबरेशन मूव्हमेंट वतीन मांडवी न्हय देगेर प्रोमेनेडार जागृताय मोहीम घडोवन हाडली. नुस्तें, कुर्ल्यो, ऑक्टोपस ह्या सारख्या जलचरांच्या हितांचो विचार करपाची गरज अधोरेखित करप हो ह्या कार्यावळीचो हेत आशिल्लो. समाजान या प्राण्यांची संवेदनशीलता ओळखून आनीक मानवी आणि शाश्वत जीवनशैलीकडे वाटचाल करची, अशी अपेक्षा आसा अशे ह्या वेळार उलयतना जेमिनी शेट्टीगार हांणी म्हणलें

सुभाष 80

१६ व्या मांगिरीश संगीत महोत्सवाचे काल सांजे मंगेशीच्या मंगेश देवस्थानच्या प्राकारात उक्तावण जालें. आदले मंत्री दीपक ढवळीकर हांच्या हस्तुकी ह्या संगीत समारोहाचे उक्तावण जातना मंगेश देवस्थानचे अध्यक्ष आनी हेर पदाधिकारी सुवाळ्याक हाजीर आशिल्ले. मांगिरीश युथ क्लब हो महोत्सव सातत्यान आयोजीत करता म्हूण मुखेल सोयरे दीपक ढवळीकर हांणी सांगले. दिग्गज कलाकारांची जल्म भूंय म्हूण मंगेशी गावची वळख आसा अशें तांणी सांगले. उक्तावण सत्रा उपरांत फामाद गायक पं. रघुनंदन पणशीकर हांचे गायन जाले आनी निमण्या सत्रात पं. शौनक अभिषेकी हांचे गायन जाले. पुराय कार्यावळीचे सूत्रसंचालन गोविंद भगत हांणी केले.

Mahesh sir– 40

तुये उद्देगीक वसाहत भितरल्या रस्त्यांचें हॉट मिक्स डांबरीकरण कामाचें उक्तावण आमदार जीत आरोलकार हांणी केलें. ह्या वेळार सरपंच अमिता साळगांवकार हाजीर आशिल्ली.तुये पंचायत वाठारांतल्या 50 हजार चौखण मिटर सरकारी जमनीचेर हंगामी स्वरूपाचे मैदान क्रिकेट मोगींक आनी फुटबॉल मोगींक उपलब्ध करून दितलेअशी म्हायती आमदार जीत आरोलकार हाणी दिली.

Mahesh sir – 50

शिरगाळ धारगळ हांगा श्री महारुद्र हनुमान देवस्थानाचो वर्सुकी वर्धापन दीस फाल्या मनयतले. ह्या निमतान भव्य कार्यावळ घडोवन हाडल्या. ह्या वेळार आमदार जीत आरोलकार हांचो भोवमान जातलो

वेगवेगळे कार्यावळी घडोवन हाडल्यात. स्वर संध्या सांस्कृतीक कार्यावळ जातली, तातूंत गायक राजयोग धुरी शास्त्रीय संगीत भक्तीगीतां, नाटय  गितां, आनी अभंग सादर करतलो अशी म्हायती आयोजक समितीन दिली.

DIP – 90

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान "गोंयांतल्या वारकऱ्यां खातीर मजत येवजण" हे येवजणे खाला गोंयच्या वारकरी (दिंडी) पंगडांची नोंदणी करपाची प्रक्रिया सुरू केल्या. गोंयच्या वारकरी संप्रदायाक वर्सुकीं पंढरपूर वारींत सहभागी जावपाक आनी भक्ती परंपरा सांबाळून दवरपाक मजत करपा खातीर ही येवजण सुरू केल्या. पंढरपूर वारीच्या काळांत  गोंयच्या वारकरी संप्रदायाची योग्य वेवस्था जावची म्हूण ही येवजण आसा.गोंयच्या सगळ्यां दिंडी पंगडांच्या प्रमुखांनी अर्ज भरून आवश्यक दाखल्या सयत वेळार सादर करचो. तशेंच दिंडीत सहभागी जावपी वारकऱ्यांची म्हायती आनी तपशील तपासपाक जाय, जेणे करून नोंदणी प्रक्रिया वेवस्थित जातली.  नोंदणी अर्ज संचालनालयाच्या  वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा. अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख 10 मे 2026 आसा.

स्पोर्ट्स

छत्तीसगडांत चालू आशिल्ल्या पयल्या खेलोइंडिया आदिवासी खेळांच्या पांचव्या दिसा काल रायपूरांत हॉकी, फुटबॉल आनी वेटलिफ्टिंग ह्यो सर्ती जाल्यो, जाल्यार अंबिकापूरांत कुस्तीच्यो  सर्ती जाल्यो.

Weather – 40

कर्नाटक आनी महाराष्ट्रा मजगतीं तयार जाल्लो उणो दाबाचो पट्टो आनी पुर्वे कडल्यान चलपी वाऱ्याक लागून राज्यांत आज, फाल्या आणि परवां पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. आज पणजेचें चडांत चड तापमान ३४.3  डिग्री सेल्सियस  आनी उण्यांत उणें तापमान २४.२ डिग्री सेल्सियस नोंद जालें.